**राष्ट्रीय खबरो**

**Date: 08 /04/2026** **6.30 PM**

अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा मदीं देशभरांतल्या खणींनी आनी वीज प्रकल्पांनी कोळशाचो फावो तो सांठो आसा अशें सरकारान आयज स्पश्ट केलें. देशभरांत एलपीजी, पेट्रोल, आनी डिझेल फावो त्या प्रमाणांत उपलब्ध आसात असे सरकारान म्हणला. सामान्य पुरवण चालू आसा, घरगुती गिरायकांक शंबर टक्के पुरवण सुनिश्चीत करपा खातीर वेपारी एलपीजीची पुरवण नियंत्रीत करून पीएनजी जोडणी आनी वेपारी एलपीजीची पुरवण मापांकीत पद्दतीन वाडायल्याचे पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांतली संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें.

इराणांतली परिस्थिती पळोवन विदेश मंत्रालयान भारतीय नागरिकांक दूतावासाच्या समन्वयान सुचयल्ले मार्ग आपणावोन बेगोबेग इराण सोडपाचो सल्लो दिला. दूतावासा कडेन आदींच सल्लो घेनासतना आनी समन्वय घेनासतना दुसऱ्या देशांनी वचपाचो यत्न करचो न्हय असो सल्लो मंत्रालयान दिला. भारतीय नागरिकांकय अधिकृत म्हायतीचेर बारीक नदर दवरपाची मागणी केल्या.

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन चालू अर्थीक वर्सा खातीर पयलें द्विमासिक चलन धोरण जाहीर करतना व्याजदर 5 पुज्य दोन पांच टक्क्यांचेर दवर्पाचो निर्णय घेतला. चलन धोरण समितीन तटस्थ भुमिका घेतल्या आनी रेपो दर अपरिवर्तित दवर्पाविशी एकमतान थारायलां अशे रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी सांगलें.

राज्यपालाच्या अध्यक्षतेखाला हे समितीची द्विमासिक बसका सोमारा सावन सुरू जाली. फाटल्या अर्थीक वर्सा एकूण देशांतलें उत्पादन 7 पूज्य 6 टक्के आसलें, जाल्यार चालू अर्थीक वर्सा 6 पूज्य 9 टक्के आसतलें असो अदमास चलन धोरण समितीन उक्तायला.

केरळांतल्या सगल्या 140 विधानसभा मतदारसंघां खतीर , आसामांतल्या 126 मतदारसंघांखतीर  आनी पुददूचेरीच्या 30 जाग्यां खातीर फाल्यां एकाच टप्प्यांत मतदान जातलें. मुक्त, निष्पक्ष आनी शांततायेन मतदान प्रक्रिया जावची हे खातीर प्रशासनान सुरक्षा आनी प्रशासकीय उपाय कडक केल्यात. पारदर्शक प्रक्रिया सुनिश्चीत करपा खातीर मुखेल वेंचणूक अधिकारी अनुराग गोयल हांणी आसामांतलीं सगळीं 31,490 मतदान केंद्रां 'लायव्ह वेबकास्टिंग' च्या देखरेखी खाला आसतलीं अशें जाहीर केलां

अमेरिका आनी इराण हांचे मदीं जाल्ल्या झुंजबंदी करपाच्या  कबलातीची भारतान तोखणाय केल्या.   झुंजबंदीक लागून अस्तंत आशियांत शांतताय स्थापन जातली आनी होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्यान नौकानयन आनी संवसारीक वेपाराचो रस्तॉ उकतो जातलो अशी आस्त विदेश मंत्रालयान एका निवेदनांत उक्तायल्या. चालू संघर्शाचो बेगीनांत बेगीन निमाणो पांवडो हाडपाखातीर भारतान सदांच डी-एस्केलेशन, संवाद आनी मुत्सद्देगिरीक तेको दिला **अशें** मंत्रालयान सांगलां.

2030 वर्सा राष्ट्रकुल खेळां सर्तींचें आयोजन करपा खातीर राज्याची तयारी पळोवप राष्ट्रकुल खेळां संघटनेचें उच्च पातळेचें शिश्टमंडळ आयज गुजराताक चार दिसांच्या भेटींर  आसा. अहमदाबाद हांगा वीर सावरकर स्पोर्ट्स कॉम्प्लेक्स आनी नरेंद्र मोदी स्टेडियम, ई. के. ए. एरेना, वडोदरा क्रिकेट स्टेडियम आनी स्टॅच्यू ऑफ युनिटी लागसारच्या एकता नगरांतल्या सुविधां सयत जायत्या मुखेल खेळांच्या सुवातींक भेट दिवपाचें ह्या पंगडाचें नियोजन आसा.

दिल्ली कॅपिटल्स आनी गुजरात टायटन्स हे पंगड  आयपीएलच्या 14व्या सामन्यांत दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमांत खेळटले. हो खेळ सांजेच्या 7.30 वरांचेर सुरू जातलो.

हॉकी इंडियान भारतीय बायलांच्या हॉकी पंगडाच्या आर्जेन्टिनाच्या भोंवडे खातीर 24 वांगड्यांचो पंगड जाहीर केला. ही भोंवडी 13 ते 17 एप्रिल मेरेन ब्युनोस आयरीसांत जातली.

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन आसाम आनी मेघालय, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, मध्य प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा, ओडिशा, पंजाब या राज्यांचेर जोगालां आनी वादळी वाऱ्या संयत गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला.

**इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो.**
**आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले – फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर.**